# मुद्रकांनी वेंचणूक साहित्य छापतना निर्बंधांचें पालन करपाचे निर्देश

ता. 23 मार्च 2026

फोंडें विधानसभा मतदारसंघाच्या पोटवेंचणुकीच्या फांटभुंयेर दक्षीण गोंय जिल्होधिकारी आनी जिल्हो वेंचणूक अधिकारी कार्यालयान लोकप्रतिनिधित्व अधिनियम, 1951 च्या कलम 127 अ प्रमाण गोंयांतल्या मुद्रणालयांक पत्रकां, पोस्टर्स आनी हेर वेंचणूकीचे साहित्य छापतना वेंचणूक आयोगान मुद्रणालयांक लागू केल्ल्या छापणावळींच्या निर्बंधांचे पालन करपाचे निर्देश दिल्यात.

वेंचणूकीचे पत्रक वा पोस्टराचेर मुद्रक आनी प्रकाशकाचे नाव आनी नामो स्पश्टपणान नमूद केल्लो आसपाक जाय. वेंचणूकीचे पत्रक वा पोस्टर छापपाक सांगपी व्यक्ती कडल्यान सय केल्ले वळखीविशीचे घोशणापत्र घेवपाक जाय, जे तिच्या/ताच्या वैयक्तिक वळखीच्या दोन व्यक्तींनी सय केल्ले आसपाक जाय आनी ताच्यो दोन प्रतीं मुद्रकाकडेन सुपूर्द करपाक जाय. वेंचणूकीचे साहित्य छापल्या उपरांत कमी वेळाभितर मुद्रकान घोशणापत्राची एक प्रत, साहित्याच्या प्रतिंचो आंकडो आनी हेर म्हायती साहित्याच्या एका प्रतीसयत राज्याच्या राजधानीत छापल्यार मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्याक आनी जिल्ह्यांत छापल्यार जिल्होधिकाऱ्याक धाडपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/202

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.